२१-०८-२०२६

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो :

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लीत केंद्रीय सचिवां वांगडा आपली तिसरी उच्चेल्या पावंड्यावेली बसका घेतली.

'वंदे मातरमा'ची फकत दोन कडवी गावपाच्या काँग्रेसीच्या निर्णयाचेर केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हांची खर टिका.

पुण्यात आयज १२ व्या ब्रिक्स संचार मंत्र्यांच्या बसकेचे आयोजन.

जाप आव्हान प्रणाली सगळ्या विद्यार्थ्यांखातीर निश्पक्ष आसा अशें नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी (NTA) न म्हळा.

एफआयएच हॉकी संवसारीक वस्तादपण सर्तीत आयज, भारताचो बायल पंगड दुसऱ्या पूल पावंड्यावेल्या पयल्या खेळात नेदरलँड्स पंगडा आड खेळतलो.

केंद्रीय सचिव बसका - १३०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लीत केंद्रीय सचिवां वांगडा आपली तिसरी उच्चेल्या पावंड्यावेली बसका घेतली. हे बसकेत देशाची मुळावी सुविधा, जोडणी, सुरक्षा, विदेश धोरण आनी सुशासन हेसंबंधीच्या मुद्द्यांचेर चर्चा जाली. प्रधानमंत्र्यांनी अधिकाऱ्यांमदी अनौपचारिक संवाद आनी सांघिक भावना वाडोवपाच्या गरजेचेर भर दिलो. प्रधानमंत्री मोदीं हांणी सरकारी विभाग, विद्यापीठा आनी तरणाटे हांच्यामदले संबंद आनीक घटमूट करपाचे आवाहन केले. तांणी देशाचो संरक्षण उद्देग आनीक घटमूट करपाची आनी ताका संवसारीक पावंड्यार आनीक स्पर्धात्मक करपाची गरज आसा अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी सांगले.

अशा जोड प्रणाली सरकारच्या कामकाजाचो एक सैमिक वाटो जावपाक जाय अशें कोविड महामारी आनी अस्तंत आशिया संकश्टाच्या अणभवांचो संदर्भ दिताना तांणी म्हळे. प्रधानमंत्री मोदीं हांणी हेवेळार कृत्रिम बुद्धिमत्तेच्या प्रभावी वापराचेर लेगित भर दिलो. तांणी खर आव्हानांक फुडो करपाखातीर आनी भारताचो

फुडार घडोवपाखातीर आनीक समन्वय, नवे विचार आनी सामूहिक जापसालदारकीची गरज परतून उलोवन दाखयली.

अमित शाहा

‘वंदे मातरमा’ची फकत दोन एरिया गावपाच्या काँग्रेसीच्या निर्णयाचेर केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हांणी खर टिका करून ताका ‘तुष्टीकरणाचें राजकारण’ आनी ‘वोट-बँकेचें राजकारण’ अशें म्हणटना सांगलें...(byte) दशकां पयला ह्या गीताची इतिहासीक विभागणी जालें उपरांत केंद्र सरकारान अधिकृत कायदेशीर मान्यताय दिवन तें सुदारलां अशें घरमंत्र्यांनी म्हटलां. ह्या आरोपांक जाप दितना काँग्रेसीचें खासदार के.सी.वेणुगोपाल हाणी १९३७ सावन हें गीत गावपाच्या पक्षाच्या परंपरेचो बचाव केलो, तशेंच हें गीत काँग्रेसीखातीर राजकी साधन न्हय जाल्यार भावनीक दायज आसा अशें ताणी स्पश्ट केलें.

ब्रिक्स संचार मंत्र्यांची बसका - ७०

भारत आयज पुण्यात १२ व्या ब्रिक्स संचार मंत्र्यांच्या बसकेचे आयोजन करतलो. संचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया  हांच्या अध्यताएखाला ही बसका जातली. ब्रिक्स वांगडी देशांचे संचार मंत्री आनी वरिष्ठ प्रतिनिधी माहिती आनी संचार तंत्रगिज्ञान, डिजिटल परिवर्तन आनी नवनिर्माण हांका बळगे दिवपाचेर हे बसकेत चर्चा करतले "लवचिक फुडाराखातीर नवनिर्माण, सहकार्य आनी परिवर्तन" हो ह्या बसकेचो विशय आसा. ब्रिक्स देशांमदी आनी व्यापक संवसारीक दक्षिणेत डिजिटल परिवर्तनाक तेंको दिवपाखातीर वेवहारिक सहकार्य वाडोवप आनी उत्तम पद्धतींचे दिवप-घेवप करप हांचेर लेगित हे बसकेत चर्चा जातली.

तरनजीत सिंग संधू - ८०

दिल्लीचे नायब राज्यपाल तरनजीत सिंग संधू हांणी ब्रिक्स शिखर परिषद २०२६ च्या तयारीचो नियाळ घेवपाखातीर एका बसकेचे अध्यक्षस्थान सांबाळे.

हे बसकेवेळार तांणी सगळ्या आघाड्यांवेल्या वेगवेगळ्या संस्थांमदी बरे संबंद आनी अंमलबजावणीच्या गरजेवर भर दिलो अशें तांणी एका सोशल मीडियावेल्या पोस्टात सांगले. तांणी सगळ्या संबंधित विभाग आनी संस्थांक मुखेल सुवातांचेर आनी संक्रमण मार्गांचेर सुरळीत येरादारी आनी सुरक्षा वेवस्थापन आनी आपत्कालीन वैजकी सज्जता सुनिश्चित करपाचे निर्देश दिल्यात. भारताच्या 'अतिथी देवो भव' ह्या

शाश्वत ब्रीदवाक्यान प्रेरित जावन, दिल्ली सगल्या परदेशी प्रतिनिधींक येवकार दिवपाखातीर पूरायपणान तयार आसा अशेंय तांणी सांगले.

घरमंत्री अस्तंत बंगाल दौरो - ३०

घरमंत्री अमित शाह काल सांजे अस्तंत बंगालच्या तीन दिसांच्या दौऱ्यार बागडोगरात पावले. बागडोगरा विमानतळाचेर मुखेलमंत्री सुवेंदू अधिकारी, दार्जिलिंगचे खासदार राजू बिस्ता आनी पर्यटन मंत्री शंकर घोष हांच्यासयत हेरांनी तांका येवकार दिलो.

Pm Zambia

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी झांबियाचे राष्ट्राध्यक्ष म्हणून फेरनिवड जाल्याबद्दल हाकाइंदे हिचिलेमा हांका परबी भेटयल्या. भारत झांबिया वांगडाच्या आपल्या भोवआयामी भागीदारीक आपुण अत्यंत महत्त्व दिता अशें एका सोशल मीडियावेल्या पोस्टात प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगले. भारत-झांबिया संबंध अनीक घटमूट करपाक राष्ट्राध्यक्ष हिचिलेमा वांगडा काम करपाक आपण इत्सुक आसा अशेंय तांणी सांगले.

NTA - १००

जाप आव्हान प्रणाली सगळ्या विद्यार्थ्यांखातीर निश्पक्ष आसा ह्या हेतून तयार केल्या अशें नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी (NTA) न म्हळा. ही प्रणाली म्हारग आसा हो हुस्को NTA न न्हंयकारला. NTA चे जाप आव्हान ही एक ऑनलाइन प्रक्रिया आसा, जेवरवी JEE Main, NEET वा UGC NET परीक्षा दिवपी उमेदवार तात्पुरत्या जापांमदल्या चुकांचेर आक्षेप नोंद करुंक शकतात. जर उमेदवारान प्रस्नाक आव्हान दिले आनी विषय तज्ञान ते आव्हान स्वीकारले, तर सुधारित उत्तर परीक्षा दिल्ल्या सगळ्या उमेदवारांक ते जातले अशें एका सोशल मीडिया पोस्टात, NTA न म्हळे . अनावश्यक आव्हाना टाळपाखातीर जाप आव्हानांखातीर शुल्क आकारतात आनी आव्हान वैध दिसले तर ते परत करतले अशेंय NTA न म्हळा.

राजनाथ सिंग

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी तांचे जपानी समपदेस्त शिंजीरो कोइझुमी हांणी काल नवी दिल्लींत जाल्ले भारत-जपान संरक्षण मंत्र्यांचे बसकेचे सह-अध्यक्षपण केलें. दर्यावेल्या सुरक्षा सहकार्या विशीं दोनूय फुडाऱ्यांनी समन्वय

पत्राचेर स्वाक्षरी करून रणनिती, आत्मविस्वास निर्माण करप, संयुक्त लष्करी सराव आनी 'मेक इन इंडिया' संरक्षण उपक्रमांचेर चर्चा केली, हें वेळार संरक्षण मंत्र्यांनी सांगलें...(byte)

हिमाचल प्रदेश - पावसाळी अधिवेशन - ८०

हिमाचल प्रदेश विधानसभेचे पावसाळी अधिवेशन आयजसावन शिमलात सुरू जातले. हे अधिवेशन ३ सप्टेंबरमेरेन चलतले. ह्या अधिवेशनात एकूण १० बसका जातल्यो. सभाघराचे कामकाज सकाळी ११क सुरू जातले. पावसाळी अधिवेशनाच्या फाटभूयेर, काल शिमलात विधानसभा अध्यक्ष कुलदीप सिंह पठानिया हांच्या अध्यक्षतायेखाला सगळ्या पक्षांची बसका जाली. ह्या बसकेत विरोधी पक्ष फुडारी जयराम ठाकूर, संसदीय कामकाज मंत्री हर्ष वर्धन चौहान आनी केवल सिंह पठानिया हाजीर आशिल्ले.

अध्यक्षांनी सत्ताधारी आनी विरोधी पक्षांक अधिवेशन बरे तरेन जावचे, तेखातीर सहकार्य करपाचे आवाहन केले.

हवामान - ७०

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य प्रदेशांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला, तेखातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या. उत्तराखंड, अस्तंत उत्तर प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, ओडिशा, अस्तंत बंगालांतलो तराई वाठार आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनीय व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, राजस्थान, झारखंड, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर खर वारें मारपाची शक्यताय आसा.

दिल्लींत आयज ढगाळ आनी कांय प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला.

हॉकी -

एफआयएच हॉकी संवसारीक वस्तादपण सर्तीत आयज, भारताचो बायल पंगड दुसऱ्या पूल पावंड्यावेल्या पयल्या खेळात नेदरलँड्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ ॲम्स्टल्फेनात भारतीय वेळेप्रमाण राती ९:३०क सुरू जातलो. हेआदी काल पूल डी गटात आपल्या निमण्या खेळात भारतान इंग्लंड पंगडा आडचो खेळ गोलशून्यान बादाबाद दवरल्या उपरांत दुसऱ्या फेरीयेत पावल घाले.